26th May 2026
8.40am

मुखेल खबरो

1. क्वाड विदेश वेव्हार मंत्र्यांची, आयज नवी दिल्लींत बसका जातली.
2. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन तीन दिसांच्या, सिक्किम भेटेर वतल्यो.
3. जम्मू-काश्मीरांत गुलमार्ग गोंडोला, रोप-वेच्या कॅबिनांत आडखून पडिल्ल्या, ३०० पर्स चड पर्यटकांक सुरक्षीत सोडयल्यात.
4. फुटबॉलांत काल गोयांत, मडगांवांत जाल्ल्या SAFF बायलांच्या वस्तादपण सर्तींत, भारतान मालदीवाक 11 आड शून्य अशे हारयले.
5. आयपीएल क्रिकेट क्वालिफायर वनांत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू पंगड, गुजरात टायटन्सा आड खेळटलो.

QUAD Meet -

आयज नवी दिल्लींत विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर, क्वाड विदेश वेव्हार मंत्र्यांच्या बसकैची येजमानकी सांबाळतले ऑस्ट्रेलियेचे विदेश वेव्हार मंत्री पेनी वोंग, जपानचे विदेश वेव्हार मंत्री तोशि-मित्सु मोटेगी आनी अमेरिकेचे विदेश मंत्री मार्को रुबियो हे बसकेंत वांटो घेतले. हातूंत प्राधान्य क्षेत्रांतल्यान क्वाड सहकार्याक मुखार व्हरपा विशीं विचारांचे आदान-प्रदान जातले. चालू आशिल्ल्या क्वाड उपक्रमांच्या प्रगतीचो नियाळ घेतले, आनी भारत-पॅसिफिक वाठारांतल्या हालींच्या घडामोडींचेर आनी परस्पर हिताच्या हेर आंतरराष्ट्रीय प्रस्नांचेर विचार जातलो. ऑस्ट्रेलिया आनी जपानाचे विदेश वेव्हार मंत्री काल दिल्लीत पावले. अमेरिकेचे विदेश मंत्री मार्को रुबीओ ह्या म्हयन्याच्या 23 तारखेक, चार दिसांच्या भारत भेटेर आयल्यात. अंदूं विदेश वेव्हार मंत्र्यांची बसका, संवसारीक अनिश्चितताय आनी अस्तंत आशिया संकश्टाच्या काळांत जाल्या. भारत, अमेरिका, ऑस्ट्रेलिया आनी जपान हांचो आस्पाव आशिल्लो क्वाड, हो एक मुखेल गट म्हणून उदेला, जो भारत-पॅसिफिक वाठारांत शांतताय, सुरक्षा आनी स्थिरतायेचेर लक्ष केंद्रीत करता.

भारत-पॅसिफिकाक आदार दिवपाक, क्वाडान भलायकी सुरक्षा, हवामान बदल, तंत्रगिन्यान ह्या सारक्या समकालीन प्रस्नांचेर आनी आव्हानांचेर लक्ष केंद्रीत करून प्रादेशिक देशांची जागृताय घटमूट करपाचो, सकारात्मक आनी वेव्हारीक मार्ग आपणायला.

MURMU -

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन तीन दिसांच्या, सिक्किमाच्या भेटेर आसतल्यो. सिक्किमांत त्यो वेगवेगळ्या कार्यावळींक हाजीर रावून जायत्या सुवातींनी भेट दितल्यो. सांजवेळार त्यो गंगटोकांतल्या, नामग्याल इन्स्टिट्यूट ऑफ तिबेटोलॉजीक भेट दितल्यो. फाल्यां राष्ट्रपती मुर्मू, नाथूला पासाक भेट दितल्यो, थंय त्यो नाथुलात सैनिकां वांगडा संवाद सादतल्यो.

Amit Shah -

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह फुडल्या कांय दिसांनी, भारताच्या शिमेवयल्या वाठारांनी भेट दितले आनी सुरक्षा संबंदीत बसका घेतले. मंत्री शाह काल रातीं राजस्थानांतल्या बीकानेराक पावले. गृहमंत्री आयज सकाळीं बी.एस.एफच्या सांचु शिमे चौकीक भेट दितले. थंय सुरक्षा दळाच्या कर्मचाऱ्यां कडेन संवाद सादतले आनी तांचे खातीर कल्याणकारी येवजण्याचें उक्तावण करतले. दनपारां ते बीकानेरांतल्या शिम वाठारांतल्या सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेतले.

मनोहर लाल इंधन संवर्धन -

तेल आनी भांगर सारकिल्या आयात केल्ल्या वस्तूंचो वापर उणो केल्यार, देशाची अर्थवेवस्था आनी परकी चलनाचो सांठो घटमूट जातलो, अशें सांगून केंद्रीय वीज मंत्री मनोहर लाल खट्टर हांणी, इंधन संवर्धनाचे आवाहन राश्ट्रीय हितांन आसा, अशें सांगलें. हरियाणाच्या जिंद जिल्हयांत मिडिया कडेन उलयतना, इंधन वाटोवपा खातीर आपल्या अधिकृत काफयेंतल्या वाहनांचोय आंकडो उणो केल्याचे, मंत्री खट्टर हांणी सांगलें.

समाजीक जागृताय आनी सुदारणा करपाचो हेत आशिल्ल्या ‘सेल्फी विथ डॉटर’ आनी ‘गाली बंद घर अभियान’ मोहिमे सयत, सुनील जगलान हांच्या समाजीक उपक्रमांची ताणी तोखणाय केली.

वाडत वचपी वीज मागणीचो उल्लेख करून मंत्री मनोहर लाल खट्टर हांणी, देशांत 21 मे दिसा, 271 गीगावॅट वीजेची चडांत चड मागणी नोंद जाल्या, जी पुराय जाल्या, अशे सांगले.

JK Rope way -

जम्मू-काश्मीरांत गुलमार्ग गोंडोला, रोप-वेच्या कॅबिनांत आडखून पडिल्ल्या, सगल्या पर्यटकांक सुरक्षीतपणान सोडयल्यात. केबल काराच्या 65 कॅबिनांत, 300 परस चड पर्यटक आडखळून पडले. कांय जाण जमनी वयल्यान सुमार, 500 फूट उंचायेचेर आशिल्ले. बायलां आनी भुरगीं सयत पर्यटकांत भंय निर्माण जालो, अशें अधिकाऱ्यांनी सांगलें.

PIB LPG -

भौशीक क्षेत्रांतल्या तेल विपणन कंपनींनी - इंडियन ऑयल कॉर्पोरेशन, भारत पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेड आनी हिंदुस्तान पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेड हांणी, वेगवेगळ्या राज्यांनी इंधनाची वाडट्या प्रमाणांत मागणी पळोवन देशभरांत पेट्रोल, डिझेल आनी एल.पी.जी.ची अखंड उपलब्धताय दिवपाचे आश्वासन गिरायकांक दिला. भौशीक क्षेत्रांतलीं तेल कंपनीं, अखंडीत इंधन पुरवण आनी कार्यक्षम जाळें सांबाळपा खातीर, वितरण वेवस्थापन चालू दवरतात. फाटल्या दिसांनी पेट्रोलियम उत्पादनांची मागणी बरीच वाडल्या. गोंयांत 1 मे ते 24 मे 2026 ह्या काळांत, पेट्रोलाचे किरकोळ विक्रींत फाटल्या वर्साच्या ह्याच काळांच्या तुळेत, 7.62 टक्क्यांनी वाड जाल्या, जाल्यार डिझेलाची किरकोळ विक्री 10.07 टक्क्यांनी वाडल्या.

WHO Ebola -

संवसारीक भलायकी संघटनेन, कॉंगो आनी युगांडाच्या लोकशाय प्रजासत्ताकांत, इबोला दुयेंसाचो प्रकोप हो आंतरराष्ट्रीय भौशीक भलायकी आणीबाणी, आशिल्ल्याचे जाहीर केल्या उपरांत, नागरी विमान येरादारी महासंचालनालयान विमान कंपन्यां खातीर, मानक संचालन प्रणाली जारी केल्या. युगांडा आनी कॉंगोकडेन संपर्क सादपी विमान कंपन्यांनी, प्रवासी देंवचे पयलीं 'स्व-घोषणा पत्र' सादर करप सक्तीचे आसा आनी तो फॉर्म दाखल करून, ताची खात्री करप महत्वाचे आसा, अशें डी.जी.सी.एन सांगलां.

रंधीर जैसवाल -

देशांतल्या एल.पी.जीच्या शुध्दीकरण कारखान्याचें उत्पादन, दिसाक 50 हजार टन मेरेन वाडयलां. भारतीय प्रवासी लोकांखातीर भारतीय दूतावास आनी वाणिज्य दूतावास तांच्या संपर्कांत आसात, अशें परराश्ट्र मंत्रालयाचे म्हणयारे रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या संयुक्त अरब अमीरात भेटीचेर, भर दितना जयसवाल हांणी, जायत्यो म्हत्वाच्यो कबलाती जाल्यात, जाका लागून भारताचे उर्जा सुरक्षेक चालना मेळ्ळया, अशे म्हणला.

देशांत पेट्रोलियम उत्पादनांची सुटसुटीत पुरवण जावची, हे खातीर सरकार सगळे यत्न करता, अशे अस्तंत आशियांतल्या हालींच्या घडामोडीं विशीं नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन बसकेन म्हायती दितना, पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयांची संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हिणें सांगलें.

SPORTS -

फुटबॉलांत काल गोयांत,  मडगांवांत जाल्ल्या SAFF बायलांच्या वस्तादपण सर्तींत, भारतान मालदीवाचेर 11 आड शून्य अशी मात केली. भारताची अवेका सिंगान चार गॉल, जाल्यार गोंयची खेळगडी करिश्मा शिर्वोइकरान दोन गॉल केल्यात. आतां आयतारा भारताची फुडली मॅच बांगलादेशा आड जातली.

आयपीएल -

आयपीएल प्लेऑफ क्रिकेटांत, डिफेंडिंग चॅम्पियन रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आयज धर्मशाला हांगा, क्वालिफायर वनांत, गुजरात टायटन्स आड खेळटलो. सांजे 7:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा. मॅचींत जैतिवंत जावपी पंगड सरळ आयपीएल 2026 च्या फायनलींत पावतलो. जाल्यार ह्या मॅचींत हारपी पंगडाक, क्वालिफायर टूंत, आनीक एक संद मेळटली.

IMD -

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्लींत, उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला आणि येल्लो अलर्ट जारी केला. राष्ट्रीय राजधानींत फाल्यां मेरेन उश्णताय ल्हारांची परिस्तिथी कायम आसतली आनी चडांत चड तापमान 44 ते 46 अंश सेल्सियस मदीं उरतलें. हरियाणा, चंडीगढ, उदेंत मध्य प्रदेश, पंजाब, उत्तर प्रदेश, विदर्भा आनी अस्तंत राजस्थानात कांय सुवातींनी, आयज खर उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. छत्तीसगढ, आंध्र प्रदेश, उदेंत राजस्थान, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, झारखंड, ओडिशा, तेलंगना, उत्तराखंड आनी अस्तंत मध्य प्रदेश ह्या वाठारांनी लेगीत, उष्णताय आसतली. अस्तंत बंगाल, कोंकण आनी गोंय, सौराष्ट्र, कच्छ, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात आयज उश्ण आनी दमट हवामान उरपाची शक्यताय आसा.

Announcement –

ही आसा एक कळोवणी. आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्ग वारीत, तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर, पीराय 21 ते 50 वर्सां, कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान, इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब तशेंच प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर.एन.यू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अर्ज करपाक निमणी तारीख 1 जून अशी आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

1. क्वाड विदेश वेव्हार मंत्र्यांची, आयज नवी दिल्लींत बसका जातली.
2. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन तीन दिसांच्या, सिक्किम भेटेर वतल्यो.
3. जम्मू-काश्मीरांत गुलमार्ग गोंडोला, रोप-वेच्या कॅबिनांत आडखून पडिल्ल्या, ३०० पर्स चड पर्यटकांक सुरक्षीत सोडयल्यात.
4. फुटबॉलांत काल गोयांत, मडगांवांत जाल्ल्या SAFF बायलांच्या वस्तादपण सर्तींत, भारतान मालदीवाक 11 आड शून्य अशे हारयले.
5. आयपीएल क्रिकेट क्वालिफायर वनांत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू पंगड, गुजरात टायटन्सा आड खेळटलो.